**15.02.2025 @ 7.20 pm**

# आकाशवाणी पणजीच्या

## मुखेल खबरो

1 मे 2026 मेरेन बांबोळे टर्शरी केन्सर सेंटर सुरु जातले,प्रोटोन थेरपी लेगीत हांगा सुरु करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिल्या

2 मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत, राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय कांय मंत्री आनी आमदार आनी तांच्या फामिलि सयत प्रयागराज महाकुंभ त्रिवेणी अमृतस्नान आनी दर्शन खातीर गेल्यात.

3 फोणेचे आदले आमदार लवु मामलेदार हांका आयज काळजाच्या आताक लागुन मरण आयले.

4 छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्यानिमतान 19 फेब्रुवारीक फर्मागुडी-फोंडा महाराजांची जीण आनी कार्याचेर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी प्रस्नमंजूशा सर्तीचे करतले आयोजन

------------

**Rashmi 130**

भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बांबोळे टर्शरी केन्सर सेंटराच्या बांधकामाची प्रत्यक्ष वचुन पळोवणी करून नियाळ घेतलो मे .2026 मेरेन हे हॉस्पिटल सुरु जातले,प्रोटोन थेरपी लेगीत हांगा सुरु करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती तांणी पळोवणे उपरांत दिल्याकेन्स .राचे पुर्व चांचणी, ताचेर उपचार, पॅलेटीव्ह कॅअर सेंटर, कॅन्सराच्या दुयेसाचेर संशधन, तशेंच कॅन्सराच्य दुयेतीची रेजिस्ट्री ह्या हॉस्पिटलात आसतली. हे हॉस्पिटल फकत गोंयांकुच न्ही जाल्यार कोंकणातल्या लोकांक लेगीत उपचार दिवपाक शकतलेसध्या गोंयांत .

अशा पद्दतीचे हॉस्पि, ताका लागुन हे हॉस्पिटल गरजेचे आशिल्ले अशे मंत्री राणे हांणी म्हणलाटाटा मेमोरियल हॉस्पिटलावांगडा कबलात करून टर्शरी . केन्सर सेंटरा गोंय सरकारा चालीक लायतले अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिल्या. हे शिवाय सुपर स्पेशेलिटी हस्पिटल ते गोंय वैजकीय महाविद्यालयाचे हॉस्पिटलाचो मदलो अंतर पयस करपाक खासा कॅम्पस तयार करून हो अंतर पयस करतले अशीय म्हायती विश्वजीत राणे हांणी दिल्या.

**Rashmi/PTI 100**

मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत, राज्यपाल पीश्रीधरन पिल्लय .एस ., भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामु नायक, मंत्री माविन गुदिन्हो, आमदार कृश्णा साळकार, संकल्प आमोणकार, जीत आरोलकार, मंत्री रोहन खंवटे, आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेचं हेर कांय मंत्री आनी आमदार आयज तांच्या फामिलि सयत प्रयागराज महाकुंभ त्रिवेणी अमृतस्नान आनी दर्शन खातीर गेल्यात. महाकुंभ यात्रेचो योग खप दिसा उपरातं येता, असो दुर्मिळ योगाचो अणभव घेवपाक आम्ही ह्या यात्रेक गेल्यात अशे राज्यापला पी . .एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी महाकुंभाचे आयोजन वेवस्थित आनी बऱ्या पद्दतीन केला. 140 वर्सा उपरांत येवपी हो महाकुंभ हो अदभुत खीण अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

**Rashmi 65**

पणजी आनी पर्वरी जोडपी आदलो मांडवी पुल आयच्यान फुडले 15 दिस येरादारी खातीर बंद केलापुलाचे दुरुस्ती काम करपाचे आशिल्यान . हो पुल बंद दवरतले, मजगती नव्या मांडवी पुलावेल्यान येरादारी सुरु रावतली अशे उत्तर गोंय येरादारी पुलिशेच्या विभागान कळीत केलाह्य रस्त्यावेल्यान प्रवा .स करपी मनशांनी ह्या येरादारी बदलाची नोंद घवची अशे येरादारी पुलिस विगान कळीत केलाइतले . मजगती आदलो पुल येदारादी खातीर बंद केल्यान आयज नव्या मांडवी पुलाचेंर येदारारीची कोंयंडी पळोवपाक मेळ्ळी

**Subhash 100**

विद्यार्थ्यांमदी तांत्रिक तांक आनी कल्पकता सोदून काडपाखातीर परवरीच्या राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेन आयोजित केल्ल्या ' व्हिव्हो इगनायट् ' ह्या तकनिकी

महोत्सवांत राज्यातल्या माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी व्हडा संख्येन वांटेकार जावंचे अशे आवाहन ह्या संस्थेच्यो संचालक सरीता गाडगीळ हांणी केलां . आँदू ह्या महोत्सवाची ३री आवृत्तीट वी ते १२वी मेरेनच्या विद्यार्थ्यां .नी आपल्यो कल्पना आनी प्रकल्प १७ फेब्रुवारी मेरेन एसहया सर्तीत .टीक कळोवच्यो अशें आयोजकांनी मांगलां .आर .सी . वांटेकार जावंक पालकांची संमती जाय पडटली अशेंय ह्या संबंधींच्या परिपत्रकांत व्हिव्हो ईगनायट डॉट कॉम ह्या पोर्टलाचेर वचून १७ फेब्रुवारी आदी नोंदणी .म्हळां .प्रक्रिया पुराय करची अशे एस सी.टीन कळीत केलां .आर .

**Rashmi/ PTI/Ganesh 95**

फोणेचे आदले आमदार लवु मामलेदार हांका आयज काळजाच्या आताक लागुन मरण आयले लवु मामलेदार हांची थळाव्या रिक्षा चालकाकडे वाद जाल्लो. रिक्षाकारान लवु हांका थापड मारिल्यान ते कोसळ्ळे ताच्या . ताका सिव्हील जिल्हो हॉस्पिटलात उपचाराखातीर दाखल केले उपरांत तांका मरण .आयिल्याचे कळा लवु मामलेदार हे 2012-2017 मेरेन फोंणे मतदारसंघाचे आमदार आशिल्ले .तांणी मगो पक्षाच्या उमेदवारीतल्यान ही वेंचणुक लढयिल्ली. 2017 वर्सा तांका कॉग्रेसीचे उमेदवार रवी नायक हांणी हरयिल्ले लवु मामलेदार . हांणी राजकीय कारकीर्दीत पयली पुलिस अधिकारी म्हण काम केला.

**Rajesh 125**

दिवचल मतदारसंघातल्या अडवलपाल भौशिक बांधकाम खात्याचे वतीन घाट हांगा पूल आनि रस्त्याच्या कामाचो शुभारंभ मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हांचे हस्तुकीं जालोजलस्त्रोत खात्याचे वतीन बांधाच्या कामाची . पायाभरणी आमदार शेटये हांचेहस्तुकीं जाली हे वेळार.तांचे वांगडा जिल्हा पंचायत वांगडी प्रदीप रेवडकर ,अडवलपाचे सरपंच ,पंच आनि ज्येष्ठ नागरिक हजर आसलेऊक्तावण आनि पायाभरणी समारंभात उलयताना दिवचल चे . आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं सांगलें की गोंय सरकारच्या मदतीन दिवचल मतदार संघात वेगवेगळी उदगतीचीं कामां करपा खातिर मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांचे बरेच सहकार्य मेळटादिवचल मतदार संघातल्या . लोकांक जाय ते प्रकल्प तशेच उदरगत घडोवन हाडपकातीर आमदार या नात्यान आपुण सदांच प्रयत्न करत आनि ही उदगतीची कामां पुराय करपाखातीर दिवचल

मतदार संघातल्या लोकांनी सदांच सहकार्य करपाक जाय अशें आवाहन आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं केलां .

**DIP/Ganesh 170**

19 फेब्रुवारी फर्मागुडी-फोंडा आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळ्यानिमतान राज्य सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन छत्रपती शिवाजी महाराजांची जीण आनी कार्याचेर हायस्कुल आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन करतले. ही सर्त सकाळी 9.00 वरांसावन फर्मागुडी हांगाच्या श्री गणपती देवस्थानच्या प्राकारात जातली. नाट्य प्रवेश सादरीकरणाखातीर चडांत चड 7 मिनटांचो वेळ मेळटलो. नाट्य प्रवेश सर्तीत जैतवंत पंगडांक पयले 10 हजार, दुसरे 7 हजार आनी तीसरे 5 हजार रूपया अशी तीन रोख इनामां आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले.आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीत प्रत्येक महाविद्यायान दोन विद्यार्थ्यांक वाटो घेवपाक मेळटलो. पयली सर्तकांखातीर मुळावी फेरी जातली आनी अंतीम फेरीखातीर पाच पंगडाची निवड जातली. सर्तीच्या जैतवंतांक पयले रोख 7,500/- रूपया, दुसरे 5,000/- रूपया आनी तीसरे 3,000/- रूपया आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले. तशेंच प्रत्येकी 500/- रूपयांची दोन उमेद वाडोवपी इनामां भेटयतले.नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रस्नमंजूशा सर्तीत वाटो घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्यांनी आपल्यो प्रवेशीकां ता. 18 फेब्रुवारी 2025 पयली म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालय, उद्देग भवन, पणजी गोंय हांगा सुपूर्द करपाक जाय.

**Rajesh 90**

सम्राट इंटरनॅशनल चे वतीन 45 वें सम्राट संगीत संमेलन आयज आनि फाल्यां मळ्यार 15 आणि 16 फेब्रुवारी 2024 या दोन दिस साखळीच्या रवींद्र भवनात जाता .आयज आ फाल्या अशे दोन दिस चलपी या संगीत संमेलनात गोय तशेंच देशातले नामनेचे गायक कलाकारनी भाग घेतला हातूंत विश्वजीत मिस्त्री .,पंडित जॉयदीप मुखर्जी, उस्ताद हाफिज खान ,भारत बलवली तसेच हेर गायक कलाकारांचे गायन जातले दोन दिस चलपी या सम्राट संगीत संमेलनात संगीत . .मोगी रसिकांनी हजर रावचे अशेंआवाहन सम्राट इंटरनॅशनलान केला

**Prasad 220**

गोंय सरकाराचे शिक्षण खातें आणि गोवा शिपयार्डच्या जोडपालवान लायन्स क्लब ऑफ फोंडा, लायन्स क्लब ऑफ काकोडा वतीन केपे आणि संIगे तालुक्यांतल्या शाळेंतल्या शिक्षकां खातीर 3 दिसांचो प्रमाणीत वरिश्ठ पयली मदत प्रशिक्षण कार्यावळ काकोडा हांगच्या एस आर बँक्वेट सभागृहात जाली. प्रशिक्षण शिबिराचें समारोप सुवालो आज संपन्न जलो. हें शिबिर केपें आणि सांगे तालुक्याच्या शिक्षकां खातीर आशिल्ले आनी तातूंत वेगवेगळीं प्राथमिक मदत पद्दती तशेंच तंत्रीक पद्दतीन आपत्कालीन स्थितींत खंयच्यो सेवा दिवच्यो हें शिकयले. नामनेचो प्रशिक्षक डॉ.जॉर्सन फर्नांडीस ह्या शिबिराचे मुखेल प्रशिक्षक आशिले. ह्या शिबिरांत सहभागी शिक्षकांक वेगवेगळीं पयली मदत उपचार पद्दती आनी आपत्कालीन सेवा तानी दाखयली. समारोप सुवाळ्यात गोंय शिपयार्डाचे मार्क फर्नांडीस, लायन्स क्लबाचे अधिकारी आनी ह्या प्रकल्पाचे समन्वयक तशेच फोंडा लायन्स क्लबचे अध्यक्ष मनीष धारेश्र्वर हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मार्क फर्नांडीस हाणी ह्या शिबिरांत केपे तालुक्याच्या सुमार 40 शिक्षकांनी वांटो घेतलो आनी हाचे उपरांत गोयच्या हेर तालुक्याच्या शिक्षकां खातीर अशेंच शिबिर घडोवन हाडपाचे आसात आनी ताकाय व्हड प्रतिसाद मेळ्ळतलो अशें तांणी सांगलें. प्रकल्प समन्वयक मनीष धरेश्र्वर हांणी सांगलें की गोवा शिपयार्ड आनी लायन्स क्लब ऑफ फोंडाच्या सहकारान आतां मेरेन जायते समाजीक उपेगी प्रकल्प चांलीक लायलयात आनी समाजीक वचनबद्धताय तिगोवन दवरतनाच ह्यो संस्था आणीबाणीच्या वेळार देश सेवेखातिर मदत करपी प्रशिक्षक तयार करन देशाक उपेगी काम करतात अशें सांगलें. ह्यो पद्दती शिकून प्रशिक्षणाचो फायदो करून घेवचो कारण त्या वेळार अपघात बळी पडपी लोकांक आमी कशी मजत करूं येता हें सिद्ध जाता अशे उलयताना प्रकल्प समन्वयक मनीष धारेश्र्वर हांणी सांगलें.

**Rajashri 80**

सुकूर ग्रामपंचायतीत जे एम जे पंपींग स्टेशनाकडे पंपींग व्यवस्थेसयत १००० सम्पच्या बांधकामाची पायाभरणी पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांच्या उपस्थितीत, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाली. यावेळार सुकूरची सरपंच सोनिया पेडणेकर आनी हेर पंचसदस्य उपस्थित आशिल्ले. भशिक बांधकाम

खाल्यान हातीच घेतील्या या उपक्रमाचे उद्‌दिष्ट या वाठारातली उदका पुरवण मुळाव्यो सुविधा वाडोवप आसा जाका लागुन शांतीनगर, सुकूर, पंचायत क्षेत्र, वर्षा कॉलनी, अराडी आणि सुकुर ग्रामपंचायतीच्या २० पॉइंट कॉलनीतली सुमार ३,००० रहिवाशांक फायदो जातलो. हे बांधकाम ३० जानेवारी क सुरू जाल्ले आनी ते ५ नोव्हे २०२५ मैरेन पूराय जावप अपेक्षित आसा

**Rajashri 150**

अयोध्येत श्री रामलल्लाचे दर्शन घेवपाक वचपी गोमंतकीयांची सोय जावची, हे खातीर अयोध्येत गोवा भवन उभारपाया हालचालींक सरकारान गती दिल्या . राज्य सरकारान थंयअधिकाऱ्यांचो एक पंगड धाडुन मंदिरापासून विमानतळाच्या दिशेन ५ किलोमीटर अंतरार ३ हजार चौखण मीटर आकाराचो भूखंड निश्चित केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी अयोध्या दौऱ्यावेळार भूखंड उपलब्ध जाल्यार गोवा भवन उभारपाची घोषणा केली . ते उपरांत उत्तर प्रदेश विकास निगमाच्या माध्यमातल्यान थयच्या सरकारान एक भूखंड गोवा सरकाराक दिवपाची तयारी दर्शयली. राज्य सरकारान स अधिकाऱ्यांचौ पंगड ह्याच सप्तकात अयोध्येक धाडील्लो. त्या पंगडात सर्वसाधारण तपासपाक धाडीले प्रमाण या भूखंडार गोवा भवन उभारपाक मेळटले, असो अभिप्राय सरकाराक दिला अशी माहिती मेळाल्या. या भूखंडात उंच सखलपणा नासून तो रस्त्यालागीच आशिल्यान पावपुय सोपे जातले अशे यासंदर्भात अहवालात नमूद केला. थंय तळमजल्यार ९० आणि पयल्या मजल्यार १०० कुडी बांधकाम शक्य आसा असो प्राथमिक अंदाज आसा.

**नमस्कार**